प्रादेशिक खबरा

आकाशवाणी पणजीच्या

18.02.2025 @ 7.20 pm

मुखेल खबरो

- गोंय सन,सेण्ड ॲण्ड सी न्ही जाल्यार स्पोर्टस म्हणल्यार खेळा मळाकुय महत्व दिता अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.
- ‘नक्षा’- ह्या उपक्रमावरवी जमनिची प्रत्यक्ष स्वरुपाची GIS BASED 3D MAPPING करपाखातीर गोंयांतल्या पणजी, मडगांव आनी कुंकळ्ळी शारांची निवड जाला.
- राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) 2020 प्रमाण राज्य सरकारान 1 एप्रील सावन नव्या शिक्षणीक वर्साक सुरवात करपाच्या निर्णयाक उच्च माध्यमीक शिक्षक संघटणेन तेंको दिला.
- मुक्ती चळवळींतले पयले हुतात्मा बाळा राया मापारी हांची 70 व्या पुण्यतिथ जाली

Rashmi 180

शारीरीक आनी मानसिक घटमुट भलायकी आशिल्ली सशक्त पिढी तयार करपाची ताक खेळांत आसा, ताका लागुन खेळ महत्वाचे आसा. गोंय सन,सेण्ड ॲण्ड सी न्ही जाल्यार स्पोर्टस म्हणल्यार खेळा मळाकुय महत्व दिता अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. गोंयच्या शाळांनी 75 तऱ्हेचे भारतीय पारंपारीक खेळ शिकयतात, तशेचं खेळा मळार एक पिढी गोंयातल्यान तयार जावची म्हण सरकारान सगळ्यो आवश्यक साधन सुविदा उपलब्ध केल्यात अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते national sport university of manipur, गोंय विद्यापिठ, तशेंच डोन बोस्को म्हाविद्यालयाच्या जोडपालवान "फीट फोर लायफ" ह्या परीशदेच्या उक्तावण सुवाळ्यात मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. ह्यावेळार गोंय विद्यापिठाचे उप कुलपती हरीलाल बी. मेनन हांणी भारतीय पांरपारीक खेळातल्यान आमची संस्कृतायेचे दर्शन जाता ,

ताका लागुन मोर्डन खेळासयत पारंपारीक खेळ लेगीत तिगोवन उरपाक जाय अशे म्हणले. ह्या परीशदेत 16 देशातले 250 प्रतिनिधीनी वाटो घेतला. हांतुन खेळगडी, खेळा प्रशिक्षक, खेळ तज्ञ, तशेचं हेर मानेस्तांचो आसपाव आसा. ह्या परीशदेवरवी खेळाविंशी 32 खेळा तज्ञ मार्गदर्शन करतले,हांतुल्ले 26 आंतरराश्ट्रीय खेळ तज्ञ ह्या सत्रात मार्गदर्शन करतले. ह्यावेळार national sport university of manipur ची प्रा. उशा नायर , ओल्मपियन पद्मश्री कुंजाराणी देवी, तशेचं गोंय विद्यापिठाचे रजिस्ट्रार सुंदर धुरी हाजीर आशिल्ले. ही कार्यावळ गोंय विदयापिठाच्या सभाघरात जाली.

Rashmi/DIP 270

'नक्षा'- (नॅशनल जिओस्पेशल नॉलेज बेस्जड लॅण्ड सर्वे ऑफ अर्बन हॅबिटेशन) ह्या उपक्रमावरवी जमनिची प्रत्यक्ष स्वरुपाची GIS BASED 3D MAPPING करपाखातीर निवड जाला. ह्या उपक्रमाचे उक्तावण आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले. केंद्र सरकार पुरस्कृत ह्या प्रकल्पाचो फायदो शार नियोजन आनी आपत्ती वेवस्थापना सयत शारी वाठारांनी दीर्घ काळाखातीर नियोजन करपाक आनी जमनीच्यो नोंदी पारदर्शक आनी सोपेपणी करपाक मजत जातली. गोंय हे एक ल्हान राज्य आसून लेगीत ह्या प्रकल्पा खातीर गोंयांतल्या पणजी, मडगांव आनी कुंकळ्ळी शारांची निवड जाल्ली आसा आनी ह्या शारांतल्या वाठारांतल्या जमनीचें सर्वेक्षण आनी नोंदी थ्रीडी- जी. आय. एस डेटाबेस तयार करप, एरीयल फोटोग्राफीतल्यान तशेच ड्रोनाचो उपेग करुन जमीन सर्वेक्षण, मालमत्ता कर, तशेच ह्या सुवातीखातीर लागपी उदक, कोयर वेवस्तापन. आपतकालीन यंत्रणा तयार करप, डीजीटल सर्वे प्लान, फोर्म डी, उपल्बध करपाच्या हेतान हो प्रकल्प महत्वाचो थारतलो अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. भारत सरकाराचे भु नोंदणी खाते आनी गोंय भु - नोंदणी आनी वेवस्थापन खात्याच्या जोडपालवान हे काम जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या. ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं 'नक्षा' लोगो आनी माहिती पुस्तीकेचें विमोचन जाले.आयुक्त आनी महसूल सचीव संदीप जॅकिस हांणी 'नक्षा' हो देशव्यापी प्रकल्प आसून सरकार आनी सामान्य मनशाक ह्या प्रकल्पाचो फायदो जातलो, तशेंच जमीन महसूल एकटाय करपाक, जमनीचे दावें निकालांत काडपाक मजत जातली अशें सांगून तांणी ह्या प्रकल्पा खातीर निवड जाल्ल्या वाठारांतल्या नगरपालिकां मंडळांनी सर्वेक्षणाचें काम वेळार पुर्ण करपाक सहकार्य करपाची मागणी केली.

मालमत्ता आनी भूंय नोंदणी संचालनालयाचे संचालक रोहित कदम हांणी येवकाराच्या उलोवपात 'नक्षा' कार्यक्रमाचो फायदो जमनीची नोंदणी पारदर्शक आनी कार्यक्षम पणान जावपाक मजत जातली अशें सांगलें.ह्या वेळार उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी डॉ. स्नेहा गीते, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी इग्ना क्लिटस, नगरपालिका आनी पंचायतींचे प्रतिनिधीं आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.सुरवातीक आईएस चे अधिकारी अमरेंद्र कुमार सिंग हांणी 'नक्षा' प्रकल्पाची म्हायती करून दिली.

Ganesh 130

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) 2020 प्रमाण राज्य सरकारान 1 एप्रील सावन नव्या शिक्षणीक वर्साक सुरवात करपाच्या निर्णयाक उच्च माध्यमीक शिक्षक संघटणेन तेंको दिला. 16 फेब्रुवारीक संघटनेचे वर्सुकी सर्वसादारण बसकेंत हो थाराव एकमतान मंजूर केलो. अध्यक्ष बाबाजी सावंत हांच्या प्रस्तावा उपरांत हो थाराव मंजूर जालो.

गोंयांतलें शिक्षणीक वर्स दर वर्सा जून म्हयन्याचे सुरवेक सुरू जाता, पूण एप्रिल म्हयन्यांत शिक्षणीक वर्स सुरू करप राष्ट्रीय आनी आंतरराश्ट्रीय शिक्षण वेवस्थे प्रमाण आसता. हाका लागून राष्ट्रीय शिक्षणीक सुदारणां कडेन बरो समन्वय आनी राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या शिफारशींची अंमलबजावणी सोपी करपाक मेळूं येता असो विस्वास बसकेंत हजर आशिल्ल्यांनी उक्तायलो. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 चो मुखेल हेत म्हळ्यार ताण मुक्त आनी विद्यार्थ्यांक अनुकूल शिक्षण वेवस्थेक चालना दिवप. फाटल्या कांय वर्सां सावन जायत्या हायस्कुलांनी एप्रीलांत अनौपचारीक रितीन वर्ग सुरू करतात. शिक्षणीक कॅलेंडराचो एक भाग म्हूण हाका औपचारीक केल्यार सगळ्या संस्थानी एक सारके जातले.

Rashmi 125

गोंय पर्यटन खाते आनी गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाच्या जोडपालवान पयलेच फावट सार्कोडा पंचायतीच्या सतपाल मैदानाचेर शिवजंयतीचो कार्यावळ 25 फेब्रेराक आयोजित केला. शिवरात्र 26 फेब्रेराक आशिल्यान शिवरात्रेच्या पुर्वसंध्येचेर ह्या कार्यावळीचे आयोजन केला अशी म्हायती गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष गणेश गावंकार हांणी दिली. ते पणजे गोंय पर्यटन भवनात घेतिल्या पत्रकार परीशदेत उलयताले. शिव महोत्सवाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी सांजेच्या साडे पाच वराचेर जातले. ह्यावेळार खास आमंत्रित म्हण नामनेची बोलिव्हुड अभिनेत्री सोनाली कुलकर्णी आनी मराठी तशेंच हींदी गीतांचे नामानेचे गायक अवधुत गुप्ते हाजीर रावतले.

ह्या कार्यावळीत ढोल- तासो वादनाची कार्यावळ जातली. हे शिवाय शिवभक्तीचेर आधारीत भरतनाट्यम नृत्य, शिवस्तुतीचेर आदारीत नृत्य नाटीका, गंगा आरती, तशेंच सुदेश भोसले ह्या नामनेच्या गायकाचो लायव्ह कोन्सर्ट जातलो. हे शिवाय शिव अवताराचेर गणभेस सर्तीचे लेगीत आयोजन केला अशी म्हायती गणेश गावकार हांणी दिली.

DIP 300

पोर्तुगिजांच्या हुकूमशाय सत्तेतल्यान गोंयांक स्वतंत्र करपा खातीर गोंय मुक्ती चळवळींत खूपशा लोकांनी उडी घेतली आनी तांच्या मदलो एक आशिल्लो युवा आनी धाडशी तरणाटो सर्गेस्त बाळा राया मापारी, 26 वर्सां पिरायेचेर मुक्ती चळवळीच्या झुजात हुतात्मो जाल्लो पयलो सुटके झुजारी थारलो, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज अस्नोडा बार्देस हांगा म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान गोंय मुक्ती चळवळींतले पयले हुतात्मा  बाळा राया मापारी हांच्या 70 व्या पुण्यतिथी निमतान आयोजीत कार्यक्रमात उलयतना सांगलें.

कार्यक्रमाचे आयोजन  गोवा भंडारी समाज आनी बाळा राया मापारी स्मारक देखरेख समितीच्या सहकार्यान केल्ले. बाळा राया मापारी हांणी गोंय मुक्ती चळवळीचो ध्यास घेवन स्वता जावन मुक्ती चळवळींत उडी घेतली. तांणी दाखयिल्लें  शौर्य आनी धाडसातल्यान गोंय मुक्ती चळवळीक नेट आयलो, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. सरकारान स्वातंत्र्य सैनिकांच्या कुटुंबाच्या कल्याणा खातीर खूप काम केल्ले आसून गोंया भायल्या स्वातंत्र्य सैनिकांचोय उगडास करून

तांच्या कुटुंबीयांक अर्थिक मजत केल्ली आसा. तातूंतलो असोच एक स्वातंत्र्य सैनिक हरयानातलो बेनिपाल सिंग, तांच्या घरकांनीक सरकारान 10 लाख रूपयांची अर्थिक मजत दिल्या, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाचो इतिहास राखून दवरपाक सरकार प्रयत्न करता आनी तांच्या उगडासाक आर्गां ओपता, जेणे करून युवा पिळगेक गोंयचो इतिहास आनी सुटके झुजाऱ्यांनी गोंय मुक्ती खातीर केल्ल्या त्यागाची जाणीव जावपाक मजत जातली, अशेंय तांणी सांगलें.

उदकास्त्रोत मंत्री सुभाष शिरोडकर हांणी आमी स्वातंत्र्य सैनिकांचे उपकारी आसात, तांच्या त्यागाक लागून आमी स्वातंत्र्य भोगतात. सरकारान हालीच 14 स्वातंत्र्य सैनिकांच्या कुटुंबांक 10 लाख रूपयांची अर्थिक मजत भेटयल्या, अशें सांगलें.

नुस्तेमारी मंत्री नीळकंठ हळर्णकर हांणी गोंय मुक्ती चळवळीच्या काळात अस्नोडा हे केंद्र आशिल्लें आनी बाळा राया मापारी हांणी मोठे धाडस आनी शौर्य दाखले अशें सांगून आयच्या युवकांनी बाळा राया मापारी सारख्या सुटके झुजाऱ्यांच्या त्यागा पासून प्रेरणा घेवपाचो उलो मारलो.

ह्या वेळार हुतात्मा मापारी हांची धुव लक्ष्मी चंद्रकांत चोडणकर, नेहरू युवा केंद्राचे संचालक कालिदास घाटवळ, राष्ट्रीय ओबीसी महासंघाचे गोंयचे प्रमुख मधू नाईक, उपाध्यक्ष नोनू नाईक, हुतात्मा मापारी हांचे पुतणे ज्ञानेश्वर मापारी, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक दीपक बांदेकर, म्हायती अधिकारी ऑल्विन पेरेरा, किरण मुननकर आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्लं.

PTI 125

वर्सुकी गोंय कार्निवाल 28 फेब्रुवारी सावन मनयतले आनी 1 मार्च सावन राज्यांत फ्लोट परेड आयोजीत करतले अशें एका अधिकाऱ्यान सांगलें. पर्यटन खात्यान क्लीव्हन मॅथ्यू फर्नांडीस हाका ह्या वर्साचो 'किंग मोमो' म्हूण जाहीर केला.

दक्षिण गोंयच्या बाणावली  हांगा रावपी फर्नांडीस हाची तपासणी प्रक्रिया उपरांत चार अर्जदारांतल्यान निवड केल्या. राज्यांतलो वर्सुकी कार्निवाल महोत्सव 28 फेब्रुवारी ते 4 मार्च मेरेन मनयतले अशें पर्यटन संचालक केदार नायक हांणी पीटीआय कडेन उलयतना सांगलें. परवरी हांगा 28 फेब्रुवारीक भव्य पडदो उबारपी फ्लोट परेड जातली, उपरांत 1 मार्चाक पणजे फ्लोट परेड जातली अशें तांणी सांगलें. पणजेंतल्या फ्लोट परेडाक मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत पांचवो बावटो दाखयतले अशें नायक हांणी सांगलें. उपरांत 2 मार्चाक मडगांव  3 मार्चाक वास्को आनी 4 मार्चाक मापसा आनी मोरजी हांगा फ्लोट परेड जातल्यो.

Rashmi 110

गोंय पुलिशेचे 1930 cyber हॅल्पलायन सेंटर , तशेंच येरादारी पुलिशेचे quick pass mobile app, AI LAB (ए. आय लॅब),चे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले. ह्यावेळार सायबर योध्दा लॉच करपाची कार्यावळ जाली. ही कार्यावळ रायबंदरा गोंय पुलिशेच्या सायबर क्रायम फाट्यात जाली. सायबर क्रायमाविंशी लोकामदी जागृताय जावपाची गरज आसा. अनवळखी फोन नंबरावेल्यान पयशे मागपी, वा अपहरण केल्याचे सांगुन पैशे, वा बॅक खात्याचे पीन नंबर वा बॅकीच्या कार्डाचो नंबर दिवचे न्ही, पैशे दोबरात करपाच्या हावेसात गोंयकारांनी फसचे न्ही अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान सांगले. गोंय हे जागतिक पर्यटन थळ आशिल्यान हांगा स्मार्ट पुलिसिगेंवरवी सुरक्षितताय दिवपाची गरज आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. ह्यावेळार पुलिस महानिरीक्षक ओमवीर सिंग बिस्णोई, पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार , सायबर क्रायम विभागाचे पुलिस अधिक्षक राहुल गुप्ता, हाजीर आशिल्ले.

Rajesh 115

दिवचल शहरात 19 फेब्रुवारी सरकारी पातळीचेर शिवजयंती कार्यावळ व्हडा उमेदीन आनी विंगड विंगड कार्यावळीनी जातली अशी माहिती दिवचल मतदार संघाचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेट्ये हाणीं दिल्या. हे कार्यवळीची अधिक

माहिती दितना तांणी सांगले की 19 फेब्रुवारी दिसा शिवजयंतीची कार्यावळ दिवचल शहरात वडा नेटान साजरी करतले.हे निमतान आयज अखिल गोयं पांवड्याचेर लोक नाच सर्त जाली. तशेंच दोन गटातल्यान वेशभूषा सर्त तशेच किल्ले सजावट सर्त जातली .आयएएस अधिकारी आनी दिवचलचे भूमिपुत्र अमरसिंह राणे उक्तावण करतले. 19 फेब्रुवारी दिसा सांजे चार वरांचेर लेझीम नाच ,घोडेमोडणी ,तशेच मिरवणूक जातली. उपरांत जावपी इनाम वाटप सोहळ्यात मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत ,भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष दामू नाईक, मये मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट आनी हेर मानेस्त हजर आसतले. हे वेळार महिला नाट्यकलाकारांचो मानेस्तांचे हस्तुकी सत्कार जातलो.

PMFBY 85

प्रधानमंत्री फसल विमा योजना (PMFBY)क आज नऊ वर्सां पूराय झाली . प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 2016 त ही योजना सुरू केली, ज्याचो उद्देश पीक आणि नैसर्गिक आपत्तींन  नुकसान झाल्या शेतकऱ्यांक आर्थिक सहाय्य प्रदान करप आसा. या योजनेन नाविन्यपूर्ण कृषी पद्धतींचो अवलंब करपक प्रोत्साहन दिताना शेतकऱ्यांचे उत्पन्न स्थिर करणपात महत्त्वपूर्ण भूमिका निभायल्या.

आनी आता खबरो सोपोवचे पयली काय मुखेल खबरो

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी सात वरा पंचवीस  मिनटांचेर. नमस्कार